आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा विभागावरवी

Date : 13/05/2025 6.30 PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सकाळीं पंजाबांतल्या आदमपूरात हवाई दळच्या केंद्राक भेट दिवन सैनिकां कडेन संवाद सादलो.ह्यावेलर प्रधानमंत्री मोदी हाणी सैनिकांच्या शौर्याची आणि धैर्याची तोखणाय केली . धैर्य, निर्धार आनी निर्भयपणाचीं प्रतीकां आशिल्ल्या सैनिकां मदीं आसप हो आपल्या खातीर एक खाशेलो अणभव आस आशे तंणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत म्हळा . सशस्त्र दळांच्या शौर्याचें राष्ट्र सदांच ऋणी उरतलें आशे तांनी सांगले .

संवसारान ऑपरेशन सिंदूरच्या माध्यमातल्यान भारताची तांक पळयला आणि भारत आतंकवादाक केननच थारो दिवचो हे लेगित पळयला आशे प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगले .काल ताणी देशतल्या लोकांकडे संवाद सादलो आणि मार्गदर्शन केले .आतंकवादाआड झुजपा खातीर भारताची वचनबद्धतायेचेर तांनी भर दिलो . देशाचेर जावपी खंयच्याय आतंकवादी हल्ल्याक खर प्रतिसाद मेळटलो अशें स्पश्ट केल्लें. आतंकवाद आनी पाक व्याप्त काश्मीरखेरीज हेर खंयच्याच विशयाचेर भारत पाकिस्ताना कडेन चर्चा करचो ना अशें ताणी सांगलें.

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी आयज नवी दिल्लींत सीडीएस अनिल चौहान, नौदलाचे मुखेल एडमिरल दिनेश के त्रिपाठी, लश्करी मुखेली जनरल उपेंद्र द्विवेदी आनी संरक्षण सचीव राजेश कुमार सिंग हांचे वांगडा उच्चल्या पांवड्यावेली बसका घेतली. हे बसकेत तानी भारताचे

आसतंत शिमेचे सुरक्षा परिस्थितिचो नियाळ घेतलो

मजगतीं, भारत दिल्लींत आशिल्ल्या वेगवेगळया देशांच्या संरक्षण अटॅचींक आयज सांजवेळा ऑपरेशन सिंदूराच्या यशा विशीं म्हायती दितलो. हे कारवायेखाला भारतान पाकिस्तान आनी पाकिस्तानान व्याप्त जम्मू-काश्मीरांतले जायते आतंकवादी शिबिर येसस्वीपणान नश्ट केले. हे कारवायेंत शंबरां परस चड आतंकवाद्यांक मरण आयलें. अनुपम मिश्र दिवाकरा वांगडा, एअर न्यूज, दिल्ली.

ऑपरेशन सिंदूराचेर इकरा दिसांची देशभर संपर्क मोहीम आयच्यान सुरू जाल्या. मुखेलपणान तिरंगा यात्रा नांवाची ही मोहीम पाकिस्ताना आड भारतीय सैन्याचें यश लोकांमेरेन पावतली. हे कार्यावळींत माजी सैनिक, समाजसेवक, समाजीक संस्था आनी भाजपाचे नामनेचे फुडारी वांटो घेतले. ही मोहीम 23 मे मेरेन चलतली. भारतान पाकिस्तानांतले आतंकवादी शिबिर कशे पुसून उडयले आनी पाकिस्तानान जम्मू-काश्मीर कसो घेतलो तें सांगतले. दिल्लीची मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता आनी हेर नामनेचे व्यक्ती आयज सांजवेळा कार्तव्य मार्गाचेर तिरंगायात्रांत सामील जातले.

जम्मू-काश्मीरांतल्या शोपिया जिल्ह्यांतल्या शुक्रू केलर  रान वाठारांत आयज सकाळीं सुरक्षा दळांवांगडा जाल्ल्या चकमकींत तीन आतंकवाद्यांक मरण आयलें. मारलेले आतंकवादी हे लश्कर-ए-तैबा वा टीआरएफ गटांतले आसूं येतात अशें काश्मीर पुलीस महानिरीक्षक वी. के. बिरदी हांणी आकाशवाणीच्या खबराकरांक सांगलें.

ताचे आदीं पुलिस, लश्कर आनी सीआरपीएफ हांच्या जोड पंगडान वाठारांत आतंकवादी आशिल्ल्याची म्हायती मेळ्ळया उपरांत सोद कारवाय सुरू केल्ली . हे कारवाये वेळार आतंकवाद्यां कडल्यान फारफेट सुरू जालो आनी तातूंत तीन आतंकवाद्यांक मरण आयलें. ही सोंद मोहीम आजूनय चालू आसा.

पंजाबांतल्या अमृतसर जिल्ह्यांतल्या मजीथ्यांत विखारी सोरो पियेवन 17 जाणांक मरण आयलें! ही एक दुर्दैवी दुख्खाची घडणूक आनी सरकार सगल्या लोकांक शक्य तितली मजत करतले अशें अमृतसराचे उपायुक्त साक्षी साहनी हांणी सांगलां. रोखडेंच वैजकी पंगड पिडेस्त वाठारांनी धाडले आनी ते दारांतल्यान दारांत वचून म्हायती एकठांय करतात अशें तांणी सांगलें.

चाबणें - साक्षी (अमृतसर).

सरकार पुराय तेंको दिता. आमी कुटुंबांकय मेळटात आनी कोणेय ही कल्पना केल्या, तीं लक्षणां आसूं वा नासूं, आमी सगळयांक शिफ्ट करतात. ह्या प्रकरणांत आरोपी, सोरो खंयच्यान मेळ्ळा वा ताची पुरवण करपी वितरकांक सगळयांक अटक केल्या आनी ताचो उरिल्लो सोद घेवपाची चवकशी सुरू आसा.

ताज्या म्हायती प्रमाण ह्या प्रकरणांत 9 आरोपींक अटक केल्या आनी चवकशी सुरू जाल्या.

भारताचे मुखेल न्यायाधीश संजीव खन्ना आयज निवृत्त जातले. हाचे वांगडाच सर्वोच्च न्यायालयाचे 51वे मुखेल न्यायाधीश म्हणून ताचो कार्यकाळ सोंपता. न्यायमूर्ती खन्ना हांणी सर्वोच्च न्यायालयांतलो दुसरो सगळयांत वरिश्ठ न्यायाधीश न्यायाधीश भूषण रामकृष्ण गवाय हांचें नांव आपल्या उत्तराधिकारी म्हूण औपचारीकपणान शिफारस केल्या.

केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण मंडळ-सीबीएसईन बारावी आनी धावे वर्गाचे निकाल जाहीर केल्यात. अंदू बाराव्या वर्गांतल्या 88.39 टक्के विद्यार्थ्यांनी मंडळ परिक्षेंत पास जावन फाटल्या वर्सा परस 0.41 टक्के चड आसा. आक

रक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी  आयज नवी दिल्लींत जाल्ले एका  उंचेल्या पांवड्यावेले बसकेंत भारताचे अस्तंत शिमेचे सुरक्षा परिस्थितीचो नियाळ घेतलो. हे बसकेंत the Chief of Defence Staff General Anil Chauhan, Navy Chief Admiral Dinesh K Tripathi, Army Chief General Upendra Dwivedi आनि  Vice Chief of Air Staff Air Marshal Narmadeshwar Tiwari हाजिर आशीलले. तशेच   Defence Secretary Rajesh Kumar Singh लेगित बसकेत हाजिर आशीलले.

PM-CBSE RESULT

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सीबीएसई च्या बारावी आनी धावेच्या परिक्षेत पास जाल्ल्या विद्यार्थ्यांक परबीं दिलया आनी तांची तोखणाय केल्या. हो निकाल विद्यार्थ्यांच्या निर्धाराची, शिस्त, जिद्द आनि कश्टाची गवाय दिता अशे  सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा. तशेंच ह्या कामगिरींत म्हत्वाची भुमिका साकारपी पालक, शिक्षक आनी हेर लोकांचो आदार आनी योगदान लेगित मोलादीक आसता हे  आमी समजुपाक जाय, वळखुपाक जाय हांचेय  म्हत्व तांणी मुखार  सांगलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आपले गुण पळोवन निरशेवंक शकतात अशा विद्यार्थ्यांक एकाच परीक्षेच्या गुणार तुमची तांक थारोवप ना,  एक परीक्षा म्हणजे पुराय मनिस न्हय, तुमचो प्रवास खूब व्हड आसा आनी तांची तांक खंयच्च्याय मार्क शीटा परस खूब चड आसा अशें  सांगलें. आत्मविस्वास दवरात  आनी जिज्ञासू रावात, फुडें व्हड व्हड गजाली आसात अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मुखार सांगला.

35

भारतीय  हवामान खात्यान फुडले 5 दीस वायव्य ईशान्य आनी मध्य भारतात गडगड आनी  जोगला सयत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला .तशेच ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ आनी माहेत उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय imd उक्ताल्या .

20

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सरतित आयज सांजे  7:30 वरांचेर हिमाचल प्रदेशचे धर्मशाळेतल्या क्रिकेट मैदानार पंजाब किंग्स आनी दिल्ली कॅपिटल्स पगडा मजगती खेळ जातलो.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर